'स्पन्दन'

भास कोंकणी आवसु आमची। लिपि देवनागरी उडगासु दवराची।।

Date of Publication : 1st JANUARY 2015





केरळ कोंकणी अकादमी

कोच्ची

पांच रुपया

Vanitha™
AYUR

Slim Tone
Shape Up Naturally

NO food control
exercise
side effects

- Eliminate bulk and unwanted obesity
- Reduce conversion of carbohydrates to fats
- Prevent oxidation of lipids by free-radicals
- Improve your functions
- Designed for long-term therapy

HERBAGRA
Herbal Energy Capsule

- Streamline premature ejaculations
- Rejuvenate the body by producing extra energy
- Corrects seminal debility and low sperm count
- Natural and effective formula
- Meant for long-term therapy

EXPORT ENQUIRES WELCOME

ALL NATURAL ACTIVE INGREDIENTS
ECO-FRIENDLY PROCESS ARE USED IN MANUFACTUARING

GMP Certified

Mfd by:
AYUR RESEARCH CENTRE
ISO & GMP Certified Company
Tripunithura - 682 306, Kerala, Ph: +91 484 3931281, 3931282, 2785023
Email: vanithaayurvedics@vsnl.net www.vanithaayurresearch.com

ISO 9001 2008

100% pure & natural

स्पन्दन

प्रकाशन : केरळ कोंकणी अकादमी, कोच्ची

SPANDAN

Published by :
KERALA KONKANI ACADEMY
8/28, 'Santhery', 1st Floor,
Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road,
Cochin - 682 002. Mobile : 94477 35849
Email : keralakonkaniacademy@gmail.com

खंड : 4 अंक : 1 1936 पौष

मुखेल संपादक
सुरेश ए. शेणै

उप संपादक
पी. मनोहर

कोशाधिकारि
आर. के. प्रकाश

वाँगडी
जी. मोहन राव

न्यायोपदेशक
अड.वी.एन. बसन्त कुमार

प्रचार-प्रसार
टी. आर. सदानन्द भट

Graphics by :
K. Santhosh
Mob : 9895212521

मुखचित्र : 2014 सूर्या अशोकाक पुरस्काराचे वर्षांत अस्सिले। डॉ. टी.एम.ए. पै उत्तम कोंकणी पुस्तक पुरस्कार, साहित्य अकादमी - बाल साहित्य पुरस्कार अनि गोवा कोंकणी अकादमी पुरस्कार हांका फाव जाल्ले।

लेखनान्तुली मतां त्या त्या बरोवप्याचीं

प्रति - ₹ 5/-
वार्षीक - ₹ 60/-

संपादकीय

तुमका सप्रेम नमस्कार,

अभिमानपूर्वक 52-वें 'स्पन्दन' तुम्का पांवेयल्याँ। गत सवाई चार वर्षानि केरळ कोंकणी अकादमीन तज्जे नावांक सर जल्लेले काम केल्लें अस्सि अम्मि लेकताई। इत्याक ? कोंकणी सिकोंवचाक, नित्योपयोगी अनि इतर उपकारप्रद कयरिं जाणोंवचाक, देश-विदेशान्तु चम्कूचे कोंकणी प्रवर्तनाचे एक झळक दिंवचाक, कोंकणी पोषक प्रवर्तन केल्लेल्यांले विवरु दिंवचाक, विविध रंगारि/क्षेत्रान्तु प्रशस्त काम, विजय प्राप्त केल्लेले खबर कोळोवंचाक अनि विविध तरा साहित्य वच्चूक दीवनु सग 'स्पन्दन' मासिके वट्टेन अम्का जल्या, अस्सि अम्मि लेकतात।

ह्यें एक Data Bank, Year Book, General Knowledge म्होणु इतर भाषेन संगूचे वरि जल्यां। एक-दोनि चूकि एय्लेलि अस्सूयात। तें सहज-अस्सि लेकून तें सम कोर्नु विभवांचो उपयोगु काडका म्होणु अपेक्षा।

मस्त जनानि, फुळें अंक आवरण (Bind) कोर्नु दवर्ल्या म्होणु जाणेय्ला। स्पन्दनान्तुले विभव रुचले म्होणु कळेयल्याक सन्तोषु व्यक्त करतायि। ह्ये सन्दर्भारि सगटांक अम्गेलो धन्यवादु जाणेय्ताति।

कोच्ची,
01-01-2015

सुरेश ए. शेणै,
मुखेल संपादक.

ആശംസകളോടെ.....

മാർജിൻ ഫ്രീ മാർക്കറ്റ് (രജി.)
(Controlled by Consumer Protection & Guidance Society, Regn. No. T.477/93)
1/1670 A,B,C. അമരാവതി, കൊച്ചി - 682 001
Phone : 2216112, 96050 90909, 99954 05866
ESTD 1994
HOME DELIVERY
ALL MAJOR CREDIT & DEBIT CARDS ACCEPTED

साहित्य अकादमी 2014 (मुख्य) पुरस्कार - कोंकणी भाषेक अस्सिल्ले - डॉ. माधवी सरदेशाय हंगेले 'मंथन' म्हळ्ळेले निबन्ध संग्रहाक।

आमी व्यसनपूर्व जाणेयताय की डॉ. माधवी सरदेशाय हांगेले देहान्त 22-12-2014 तारिकेक जालें। स्पन्दनाची श्रद्धांजली।

सूर्या अशोकाले 'विश्वास' म्हळेले कादंबरीक गोवा कोंकणी अकादमी पुरस्कार फाव जल्या।

All India Company Secretary Exam न्तु चौते रांक प्राप्त केल्लेले **अश्विन शर्मा**। अलपळे स्वदेशी। कोच्ची मेट्रो रेला बगेक काम कोर्नु एत्ता।

कुमारनल्लूर 14-12-2014 - कोंकणी साहित्य अकादमी (केरळ) चे दुसरे वार्षिकाघोष मन्त्री के. सी. जोसफ हन्नी उत्घाटन केल्लें। चेयरमान पय्यनूर रमेश पै अध्यक्ष आसिले। स्वर्गीय शिवानन्द शेणै हांगेले 'नीळ दोळ्यांचि चेल्ली' म्हळेले कविता समाहार मन्त्री तिरुवंजूर राधाकृष्णन हन्नि उजवाडायलें। विविध मेखलेन्तु प्रशस्त जालेले - सूर्या अशोक (साहित्य), एम. पुरुषोत्तम शर्मा (मृदंग), एस. विजय कुमार (धोलु) - हांका आदर केल्लें।

22-वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य सम्मेळन, 2015 फेब्रुवरि 13, 14, 15 तारिकेक कोषिकोड एस. एस. कलामन्दिरान्तु दोवोर्नु चमकतलें। गोवा, महाराष्ट्र, कर्णाटक, केरळान्तुले प्रतिनिधी भागु घेत्तले। कोंकणी पुस्तक प्रदर्शन, कोंकणी खाणाचे स्टाळ, आदी आस्तलें। तीन दिस्सांकय विविध कलाप्रदर्शनय चमकतलें। कोंकणी भाषा प्रतिष्ठान, कोषिकोड, हांचे तरपेन त कार्यक्रम चलेयताय।

14-11-2014 : नागेश गार्डनस, मडगांव - कृष्णा सिंगणापुरकर हंगेले "सावरी तु बावरी" म्हळेले कोंकणी ओडियो सी. डी. चे प्रकाशन जल्लें। गीन्त (Lyrics) डॉ. भिकाजी घाणेकर, दिलीप बोरकर, यूसफ शेख अनि पूर्णानन्द चारि अनि स्वयं कृष्णा सिंगणापुरकर हंगेले। म्हळ्ळेले बर्णितादास, श्वेता नायक, गौतमी हेडे अनि मौर्याचारी।

पेडणें (गोंय) - कोंकणी भाशा मंडळ आयोजित "चित्रंगी" हो बायलां खातीरचो खाशेलो साहित्यीक अनि सामाजीक मेळावो अंदु कोरगांव, पेडणें हांगा जातलो। आमी पेडणेकार ह्या संस्थेच्या जोडपालवान 3 आनी 4 जनवरीक कोरगांवच्या कमळेश्वर हाय स्कूळांत हो मोळावो जत्तलो म्होणु खबर।

With best compliments from : Phone : 0488 2432666

Mallaya Jewellers

Ipe Building,
OTTUPARA (THRICHUR DIST.)

मनाचें पाळ-16

कृष्ण नारायण नायक, कोच्ची

"श्री वायुमाधवाय नमः"

श्री हनुमन्त स्वरूपाचे पावन सन्निधानान्तु गुन्जूचें शरणमन्त्र, शीर्षकान्तु। हरिवायुस्तुति लघुवायुस्तुति हनुमान चालिसा सुन्दरकाण्ड इत्यादि पाठ पारायणाचे मोद्धें निर्गळेवंचें नमन मन्त्र। अत्युत्तम बुद्धि अनुपम शक्ति अगण्य यश अवर्ण्य धैर्य अद्भुत स्थैर्य अच्छड आरोग्य आश्चर्यकर वाक्पडुत्व... हाजे सग कामनेन तजो भण्डागार हनुमन्ताबोक प्रभव वन्दना। स्थित प्रज्ञाचें कार्य प्राप्तीचें दृढनिश्चयाचें ज्वलन्त दृष्टान्त श्रीराम परम भक्त हनुमन्ता पासून उपमो अमन्त। पवनपुत्र, आन्जनेय, मारुतिराय, वज्रदेहि.... हनुमन्त शुभनामावलीय त्याचि लेकान दिगीचि। त्रेतान्तु सजीव सानिद्य द्वापारान्तु साक्षि-शिक्षक, महिमा वैभव अपार। शैशवान्तु सूर्यफल हस्तगत करूक गगनकुदपान अमरपद प्राप्ति-रोमान्चदायक शौर्य। सुग्रीव मन्त्रि पदारि विरजेतना प्रथम समागमारीचि प्रगल्भ स्वागत संभाषणान श्रीराम दासत्व स्वीकृति। त्या पदकमल सेवेनचि जगजनमनान्तु स्थिर स्थान लब्धि। प्रथमो हनुमन्नाम... उज्वल कीर्ति, भव्य बहुमति। सीतान्वेषणेचें सामर्थ्य, दूत प्रौढि प्रदर्शन, शक्तिदुर्ग लंकेचे सूचनात्मक दहन, अतुल्य युद्ध कौशल-संभव अनुभव खन्चे अप्रधान न्हंय मू !

हनुमन्तालो उडगास मनोमण्डलान्तु जगैल्यारि भावचित्र मस्त व्यक्त उदेत्तायि। पट्टाभिषेक मुहूर्तान्तु विनम्रतेन स्वामि तृपादसमक्षान्तु, स्वभुज वाहनारि श्रीराम लक्ष्मणाक प्रथम भेन्टेक सुग्रीव महलान्तु पावोंचें अमोघ दृश्य, दशानन सभेन्तु मर्यादा लंघने प्रतिषेधान्तु बल्लाचे गिर्डळान प्रौढ आसन सज्जिले अतिशयरंग, औषधीमोलो कैलासारि थाकून वायुवेगान रणस्थलारि - दुष्कर दौत्य समयबन्ध सुसाध्य कोर्चे प्रवीणचित्रण, प्रतिरूपी भीमसेनाक मार्गमद्दें समदम सिकौचें परीक्षण.... अनन्त असंख्य। तत्सम धीर वीर शूर गंभीर अनियेक पात्र विश्वेतिहासान्तु खंय ? त्या तेजोमूर्तीरि सगू सदा कृतज्ञ। ह्या आधुनिक कालमानान्तु हनुमन्त मूर्ति-मन्दिर निरन्तर स्थापन जत्ताय। "तवनाथालि त्वयीलि" प्रीति चित्त सामीप्य अपेक्षून सर्वत्र प्रार्थना। दीपोत्सव, पुष्पालंकार (चोग्गो) लेप्पण, वडमाला, तांबूलहार, त्रिमधु लोणीगोळ, तुप्पारोन्टि, तरातरा निवेद अर्पण.... विवरणातीत विधान। हनुमन्त जयन्ति व्होड विशेषदीस। रामनवमि-अनियेकि नवरात्री-दासाकयि नवनवे अलंकार कर्तायि रामदेवाले अनुग्रहाक। रुकाचिं लोहाचिं कमनीय हनुमन्त वाहन पूजा जायते क्षेत्रान्तु जत्तायि। यतिवर्यांले समाधि स्थलांकडेय मुख्यप्राण प्रतिष्ठा दिकूयात।

☆

With best compliments from :

Sree Balaji Curtains

duroflex

Sulfex

N. Cherlai, Kochi - 2. www.keralaspicy.com

Mob : 9745201545, 9645001545 Office : 3068255

Kurl-on

Curtain works, Upholstery works, Blains works, Bamboo Curtains & All kinds of furnishing works, Aluminium Fabrication, Sintex works, Mosquito Netlon works

AMBIS RESTAURANT

CC. 8/1216 A, T. D. North Gate, Kochi - 2

Prop : R. KRISHNAKUMAR NAIK
Ph : 9388505339

Sister Concern :

AMBI'S DISTRIBUTORS

CC. 8/1216, T. D. North Gate, Kochi - 2.

Distributors of ELITE CAKES,
KITCHEN TREASURES Curry Powder

AMBI'S FOOD PRODUCTS

Pappad, Fryums, Sauwari Kondattam etc.

With best compliments from :

MEI

For all your requirement in Electro-Medical Equipment in the field of Psychiatry, Physical Medicine Alternate Medicine and Cardiology

Contact :

Mohan's Electronics & Illuminators

941/44, Parinamam Road, Kaloor, Kochi - 17
Phone : 0484 2530788 9847335788
E-mail : dasmohan60@gmail.com

Please visit our Website for full range of Products :
www.mohansmedico.com

सुभाषित

माया जी.कम्मत
कोच्ची

"अर्थानामार्जने दुःखं आर्जितानान्तु रक्षणे।
आये दुःखं व्यये दुःखं अर्थः किं दुःख भाजनं।।"

धन सम्पादन कोर्का जल्यारि कष्ट, सम्पादन केल्लेले संरक्षण कोर्का जल्यारि कष्ट। धन आयिल्यारि दुःख, खर्चिल्यारि दुःख। दुःख मात्र दिव्वे तं धन।।

औषद पंक्ति- 35

अज्जेलीं वोक्कदा

(मुत्तश्शि वैद्यं)

सुशीला टी. भट्, कोच्ची

उर-उरें आरांभून जत्तरी आयतारा जावो बुधवाराचें जावो "पच्चुट्टें" म्हळ्ळेलें एक वोक्कद लागेन रोग्याक दीवप अस्सिल्लें. दवण्याकड्डी, काळी तुळसी हांचे अर्ध मूठ पल्ले लेक्कान, एक व्होडी पियवा बय, ¼ मूठ सुक्की कोत्तंबरी, एक सनूच सुण्टीचो कुटको हें पंचय काडून चांग रूपान धूवनु दोनी खोल्ले उद्दाक रोक्कोवनु खत-खत काडून एक खोल्लो कोरनु अटोवंका. तें गाळनु, मगिरी तन्तु एक सनूच गोड्डा कुटको लगेन घालका. नीवनु जात्तरी संजे वेळारि रोग्याक पीवोवंका. हें औषध केवल एक फन्ता मात्र दिवंचे. तेवंय आयतार ना बुधवारांचे मात्र. शरीरांत भित्तर गुप्त जावनु रोगु तरी अनीकय असा जल्यार, ताका भायर हाडचे खातीर दिवंचे औषध हें.

पत्थ्य :- रोग्याक तेल्लाचें, नरलाचे खाण, रवंदयो निषिद्ध तां. मत्यार - अंगार तेल लावनु न्हावंचय जायना. साधारण मीट दीवंचां बदलाक "इन्दुप्प" (ഇന്തുപ്പ് /Rock salt) दिल्यार चांग. शियळ्या उद्दाक, पेज्जेचें निश्शें, पच्चूवें केळें पिक्कलें, काळींग इत्यादी आहाराक दीवयात. बारली उद्दाक, कोत्तंबरी घालनु खतखतेल्लें उद्दाक हेंवय सग्गा दीवयात. खंचे रूपान जल्यारीय उद्दाक चढची पिवंका. मलबन्ध येवनाशी चोवंका. सूजी गोवाचो सपूर रुलांवु दुद्दांत सिज्जोवनु, गोड घालेलें निश्शें दिल्यार मलबन्धाक परिहारु जत्ता.

सात-आठ दिश्शीं रोगु शमन जत्ता. रोगा पसावत कळाकळी आसिल्ले म्हलगडे जनांगेलो निर्देशु काडून घेवन आद्याक फूट न्हाण घालतलीं. चार-पांच दीस जात्तरी साधारण रूपान खाण-न्हाण जावयात. फूट न्हाणय आयतार - बुधवार चोवनु तां घालप. शरीराक उद्दाक वोडतलें म्हूण सांगुन, रोगशमन पर्यन्त रोग्यालें आंग वोल्ले लुगटान संत-संत पुस्सप मात्र तां.

(..शेष लगी अंकान्तु)

With best compliments from :

KARTHIKA TIMBER TRADERS

Timber Merchants & Commision Agents

9/1006 (9/1004 B-New) Anakettu Parambu, Pandikudy Road, Cochin - 682 002
Ernakulam (Dist.), Kerala. E-mail : karthika_2008@vsnl.net

R. Venkateswara Pai
Mob : 9847200121
9656210695
Ph : 0484 2210695

Suppliers & Manufacturers of Rubber Wood Packing Cases and Materials

गुल्लीयो कित्ति सांगताय - 7

एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

एकेक राशीची रोंदायि (राशि-प्रमाण/राशि मान) एक दूसर्यांतु थकून भिन्न असताति. तें कशी म्हूण चोवयां :

राशि	घटि	विघटि
मेष	04	36
वृषभ	05	08
मिथुन	05	28
कर्क	05	19
सिंह	05	02
कन्या	04	57
तुला	05	11
वृश्चिक	05	27
धनु	05	22
मकर	04	50
कुंभ	04	23
मीन	04	17
	55	300

ऊंच सूचिकेन्तु दक्केयल्यावरी 12 राशियांचे विस्तार सगळेय मेजिल्यार 55 घटि 300 विघटि (300/60 विघटि = 5 घटि) मेळ्ता. अर्थात 55 + 5 = 60 घटियो राशिप्रमाण अस्तात.

सूचना: एकेक प्रदेशान्तु राशिप्रमाणाची घटि-विघटीन्तु चड-उणें येवुयात. उंच कोच्चीचें राशि मान तां लेक्कांतु काडळ्यां.

केरळांतु सूर्याक आधारु दवरून लेकूचे पंचाग प्रचारार आसा. तजे लगून ऊंच सांगिल्लें कार्य मनांतु करूंक प्रयत्नु काडूया. आगस्त-सेप्तंबराचो मासाक केरळांतु जनां चिङ्गम (सिंह) मासु म्हूणु उळदिताति. चिङ्ग मासान्तुले प्रथम दिसा, सिंह राशीर सूर्या चडून बेस्सल्ले वेळार (रवि संक्रमण केल्लेले वेळार) धोर्नु राशि प्रमाणानुसार 5 घटि 02 विघटीक ते राशीर आसतोलो. मग्गिरि कन्या राशी, तुला राशी.... इत्यादि. अशि दिन-रात्र जावनु सूर्या लग्गीच्चे दीसा दुस्सेर चिङ्ग राशीर चडता. म्हळ्यार ते मासाचे एकु दीसु जल्लेले पसावत तेद्दूस ते राशीचे प्रमाणांतु थकून एक दिसाचो भागु उणावु येता. अर्थात 5 घटि 02 विघटिक ते मासा जावनु गेल्लेले दीसान हरण करून मेळचें शिष्ट भागु तां ते दीसा व्हरता. तशी चिङ्ग मासाक दिल्लीलि घटि विघटियो ते मासाचे पुर्तय दिस्सान पूर्त करनु तजे उपरांतें रवि लग्गिच्चि कन्या राशीर वत्ता.

D D चन्दना :- 23, 29 -11-2014 सिर्सि संध्रं अनि 9-11-2014 मोहन वेर्णेकर जाव्नु अस्सिले मुखामुख, 20 -12-2014 मंजेश्वर षष्टि कार्यक्रम अस्सिले।

Dileep Kumar K. S.
E-mail : dileepvivektravels@gmail.com
With best compliments from :
Ph : 2360293
2369010
Mob : 9447169010
Res : 2374401
24 Hours Service
VIVEK TRAVELS
Near Public Library, Convent Road, Ernakulam, Kochi - 682 035
All Types of Vehicles available

कोंकणी द्विपदि सूक्ति

- नागेश अणवेकार, कारवार

देश एक भास अनेक। विविधतांतु एकता।
द्वेष नाका दोष कित्या। अखंडतांतु भारत।।

चेर्डुवांलि चित्रँ

कु. **कौस्तुभ आर. भट् (12)**। राजेष आर. भट् अनि प्रदीपा हांगेलो सुपुत्रु।

लक्ष्मीस्तुति

- सुशीला हरि भट, कोच्ची

स्तुति करताय लक्ष्मी तुज्जी
भक्तीन अम्मि .... (स्तुति)

कुंकुमेचो तीळो कोर्नु
पीताम्बर नेस्सूनु
वज्राबोळि गल्लेल हत्तांतु
अस्स कमल् धोर्नु (स्तुति)

कमले कमलाक्षी कमलगन्धिनी
कमलासने देवी विष्णुवक्षस्थलवासिनी (स्तुति)

कुंकुमेन पुष्पान तुक्का
मंगल्योस्त्रीयो करताय अर्चन्
मंगल मांगल्य दीन्नु
राक अंका दयेन (स्तुति)

तु अतिसुन्दरि ममगृहान्तु वासु करि
त्रिसन्ध्याकालारि स्तुति मणायि भक्तीरि (स्तुति)

कोंकणीक जय म्हणा! - के. अनन्त भट्ट, कोच्ची

कोंकणीक जय म्हणा ! कोंकणीक जय म्हणा !
मुकारि मागर्शी प्रयत्न करूया कोंकणीचे बरेंपणा।।प.।।
भासे साहित्य भण्डार आमचें भारी अमूल्य सम्पदा।
असलें रत्न कोर्नु प्रयत्न राकून घेवुया तें सदा।।1।।
कविता कादंबरी नाटकुली गीत प्रबन्ध की काणी।
कवि गायक गायिका नटिनट आस्स ते मस्त प्रमाणी।।2।।
हिन्दू मुस्लिं, क्रिस्तावांचियि आवय कोंकणी भास।
सुन्दर साहित्य वाढौन आमकां करूया तिचो विकास।।3।।

तिरुवनन्तपुरम, 30-11-2014 - केरळा योगा असोसियेषनान घडेय्लेले 'केरळा स्टेट योगासन चाम्पियनषिप 2014-15' न्तु म्हल्गड्याले (50 वर्षा वयरि) विभागान्तु द्वितीय स्थान प्राप्त केल्लेले कोच्चीचे नन्दकुमार एस. शैणै।

With best compliments from :

imc The Complete Digital Store
International Marketing Co.

39/4755 A, IMC Tower, Madhavan Nair Road,
Ravipuram Jn., Ernakulam, Cochin - 16.
Tel : 0484-4135000,4135001, 3018068,
3018067, 3018070, 3018069, 2374820
Fax : 0484 2374820
E-mail : imc@asianetonline.net

AUTHORISED DISTRIBUTOR FOR DELL™ AND SONY
Dealers in Computers, Peripherals, Network Solutions

पूतना मोक्षु

[मेलपत्तूर नारायण भट्टतिरिले नारायणीयम् हज्जे भाषान्तर - पुष्पा नवीन, चालक्कुडी]

कर* बांदूक नंद मथुरेंतु पावलो
ताका दिकूक वसुदेव आयलो
कंसाले किंकर अनर्थ कोरूक
वच्याची सूचना ताका दिंवचाक

"तुका पूतु जन्मला म्होणु आयकीलें मित्रा !
माका पूतु जन्मल्ले समान तें दिसता !"
कृष्णा, तुगेलें पितृत्व नंदाचेरी
समर्पण कोरनु तो मोगान आसा सांगतरी

"दुरनिमित्त मस्त दिकूक येतायी
बेगीबेगीन गांवांतु तूं वचाक चोयी"
आयकूनु नंदाक जाता भीति
परतूनु वतना मनाध्तु विभ्रांति
मुदियाळे केसांची मोहनांगी
सुंदर मंदहासान आयली लागी
व्रज गृहांतुले मोहन बाळा हरि !
तुजे लागी बेसली ती सुंदरी !
काडल्याय तीणे मस्त चेरडांचे जीव
घोर राक्षसी, पूतना तिजें नांव
"कोण ही सुंदरी ?" म्होणु गोपियांनी
चिंतन करतना तुका काडता हातांनी !

हासोवनु खेळोवनु व्हरता धरा कडे
"नाका नाका", म्होणु तांनी सांगचे फूडे
पीवयात तुका स्तन, भितरी व्होरनु
गोपियो भायर राबताय, स्तब्द जावनु !

"कितले चेरडांले जीव तूवें काडले ?"
अशी कोपान बालकृष्णान सोसले
विषलिप्त स्तन, बळान तिगेले
होडले एकु आंबो सोसूचे सारके !

स्तनांतुले दुद्दा भरशी पान केल्लो
वसुदेव बाळान प्राणूच तिगेलो !
घोर गर्जनान हातपाय धाडावनु
मोरनु पडली ती, घोर रूपिणी जावनु !

भिल्लीं, तिगेलें घोर गर्जन आयकून
आनी रूप भीकर दिकूनूय जनां
तिजे हर्द्यारी हासून खेळचे चेरडाक
गोपियो लागल्यो होगी ओडून काडचाक

"शुभ रूपा ! रक्षण कोरका तूंची !"
प्रार्थना हीच गोपिजनांची
गोकुलांतु सर्वांकय रक्षण कोरचे
देवा, मागतां, माकाय रक्षण कोरचें !

वसुदेवाले उत्तरांनी भीतित जावनु
गोकुलांतु पावलो नंदगोपु धावनु
होडले रूक पडल्याय मोडून, तांचे ऊंच
पडल्यां भयंकर रूप एक, भारी नीच !

गोपिजनांनी सांगिल्ले वृतांतांनी
पूतनेलो मृत्यु जाला म्होणु कोळूनी
देह तिगेलें दूरा स्थलारी व्होरनु
अग्नींतु अर्पण केल्लें, कुटके कोरनु

* കുറ്റം, Tax

With best compliments from :
Phone : 0484 - 2381342
Mob : 98470 56521
Proprietor :
Sivaram B. Prabhu
PRABHU'S Banana
Wholesale Banana Merchant
Basin Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

सगळेच जनांकय अतिशय पावोवनु
भायर आयलो, तिगेले देहांतु थाकूनु
घमघमु गांदाचो, सांब्राणीचो
तिजें देह पूनीत, कारण स्पर्शु तुजो

"मिजे देह स्पर्शान तुमगेले जन्मय
पवित्र जावनु मोक्षु मेळत, चोयाय !"
अशी गोपवृंदांक सूचना दिंवचाक
दिल्लो तूवें सुगंध पूतनेले देहाक

"महाद्भुतय हें, हे राक्षसीचान
जाल्लेना कोरूक हे बाळाचें हनन !
वसुदेवान अशी प्रवचन केल्लें"
म्होणु चेरडाक चोवनु गोपांनी म्हळ्ळें.

अञ्चिकमळ : एरणाकुळत्तप्पन मैदानान्तु 29 नवंबर थकून 8 डिसंबर थांय 18 वे अन्ताराष्ट्र पुस्तकोत्सव जल्लें। कोंकणी साहित्य अकादमी-केरळ हंगेले कोंकणी स्टाळाय अस्सिले।

अंब्याचो रूकु

- गोविन्द एस. नायक, कोच्ची

अंब्याचो रूकु अम्बो जंवचाक
अब्बोन वोय्लोलो तो अम्का खंव्वाक।।

अम्ब्याचे रुक्कारि अम्बूलि धर्लि
अंगणान्तु पळ्ळेली ती अम्का खंव्वाक।।

अम्बूलि एकेकि अम्बो तो जल्लो
अम्ब्याचो गोज्जू तो अम्का खंव्वाक।।

अम्ब्याचि ती पेसि अंबूशी रुची
अम्ब्याचे नोण्चे तें अम्का खंव्वाक।।

अम्ब्याचि फडि अम्का ती गोडि
अम्ब्या अम्बट तें अम्का खंव्वाक।।

अंम्ब्याचो रोस्सु तज्जेरि मूसु
अम्बसट कोर्नु ते अम्का खंव्वाक।।

एक बप्पा अनि दोगजाण पूत

- ए. आर. प्रभु, कोच्ची

एक बप्पाक दोगजाण पूत अस्सिले। बप्पाक बहु प्रायि जल्लि। कसल दंद कोरूक जायना। तो मञ्चारि पोणु अस्स। पूत दोगेय अळसे (Lazy)। बप्पान पुत्तांक वुळदून संगिले - "तुम्मि दोग्गय जणानि अस्सिले घर अनि स्थल, रूक इत्यादीय सम कोर्नु काडका" म्होणु। धकूलो पूतु बुदवोन्तु। घराचो दोनि कोर्नु भागु केल्लो। एक अम्ब्या रूकु। भावान अन्ना लागि संगिले "वुंचावेलो भागु मक्का, खलचो भागु तुक्का। गायचो पोंदा भागु मक्का, वुंचावेलो भागु अन्नाक।" एक भाँडि अस्सिलि ती दोनि केल्लि। अम्वो पोडूनिक भावान कळ्ळो। गायचे दूध भावु कडता। अन्नाक बहु दुःख जल्ले। कसि जावो म्होणु ताणे भाण्डीचो अर्द्ध भागु वोडूनीक तन्तु थकून नोट्टां काट भायर पळ्ळे। तो ह्यें भावालागि संगूया म्होणु वच्चानिक तो दिकता भावु तगेले भाण्डि भागु रन्नीन्तु दोवोर्नु लस्सूचे तँ। तस्सि भावाक मेळ्ळोलो दामु सग लस्सूनु गेल्लो। अन्नान मेळ्ळोलो दामु भावाकयि दिल्लो। अनि ते दोगयजाण सुखान रबीले।

With best compliments from :

Phone : 2384678, 3042529
Res : 2371326
Mob : 98953 00868

V.A

VASUDEV AGENCIES

40/8740, T. D. East Sannidhi Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

GI Fittings, CP Bathroom Fittings, GM Valves & Cocks, PVC Pipes, PVC Valves, Pipe Fittings

संस्कृति मंत्रालय, भारत सरकार, साहित्य अकादमी अनि काशी हिन्दु विश्वविद्यालय, वाराणसी हंगेले संयुक्त आभिमुख्यारि "बहुभाषी रचना पाठ" कार्यक्रम डिसं 25-27 तारिकेक काशी हिन्दु विश्व विद्यालयाचे दृश्य कला संकायचे (Faculty) सभागृहान्तु चमकीले। कोंकणी प्रतिनिधि - प्रकाश पर्येकर (काणि-वाचप विभागान्तु)।

डिसं. 21-22 तारिकेक - इम्फालाचे जवहरलाल नेहरु मणिपूर नृत्य अकादमी सभागृहान्तु दवोर्नु साहित्य अकादमी "अखिल भारतीय काव्य उत्सव" घडेय्ले। कोंकणी प्रतिनिधि - रमेश वेलुस्कर।

गोवा कोंकणी अकादमी अनि श्री मल्लिकार्जुन कला अनि वाणिज्य महाविद्यालयाचे संयुक्त आभिमुख्यारि 16 वें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन - 2014, देळें-काणकोण श्री मल्लिकार्जुन महा विश्वविद्यालयान्तु दवोर्नु डिसं. 13 तारिकेक जल्लें म्होणु खबर।

"कविता फेस्ट 2015" - 11-1-2015 चौलीकेरे (बारकर, उडुप्पि) हंगा जतले म्होणु खबर। मुखेल सोयरे पास्कल अलन नजेरत्त अनि मानाचे सोयरे बर्स्ती वामन शेणे, नवीन डयस अस्तले। बहुभाषा कविता वाचनय इतर कार्यक्रमय अस्तले। ह्यं कार्यक्रमान्तु भटकळचे कोंकणी कवि इक्वाल सर्यादिक 2014 चे मथायस पुरस्कार दित्तनि।

भक्तिगानमाला

- वी. सोमलता आचार, कोच्ची

नारायण हरि गोवर्द्धनोधारी
हृदय विहारि शंखु चक्रधारी
हे गोविन्दा हे आनन्दा
बुद्धी ज्ञान भक्ति दी हरे मुकुन्दा (२) (नारा)

सृष्टि विधि कर्ता ब्रह्मदेवु
लोक परिपालन कर्ता महाविष्णु
अन्त्यकालारि महादेवु
मनुष्य जन्मु अंवचो काणु
त्रिमूर्ति खेळ्ता व्होडु खेळु
पूर्व पाप हरण कोरूक नरजन्मु (नारा)

नरजन्मु सफल जव्वाक देवाले स्मरण
भक्तीन कीर्तन म्होणु कोर्का भजन
जीव मणता रामनाम
कान अयकतायि भक्तीन
ताळु बज्जूनु कर्तायि भजन
दोळे आर्तीन चोय्तायि दर्शन (नारा)

बाल, कौमार, वार्द्धक्य अंबका जत्ता
माया बन्दनान्तु अम्मी पडतायि
रीणा वन्दन सल्यारि
देवानू उळदिल्यारि
बन्धु, बान्धव सर्वय
व्यसन पवंताय
गोविन्दाले स्मरणेन मुक्ति मेळता (नारा)



फोवायि पाल्ये

बायलाँ खातिर (ददल्यांकय) - उषा. आर. भट्, हैदराबाद

सामग्री

1. दाटु फोवु - ½ पडि (250ग्रां)
2. जीवे नर्लाचि सोयि - 1 वोळ्याचि
3. जीवि मिर्सांग - 5
4. सुक्कि कोत्तंबरि - 1 व्होड चिपट
5. सांबाराचो पिट्टो - 1 व्होड चिपट
6. व्होडु पिय्यावु - 1 (हित जल्यारि मात्र)
7. मीट - आवश्याक

फोवुयि सोयियि मेळोन्नु चन्द जाव्नु चिर्डूनु मोवु कोर्का। (नर्ला उद्दाकयि अस्स जल्यारि मोवु कोरुक काडयात) पषणा रोगड्यान्तु जीवि मिर्सांग, सुक्कि कोत्तम्बरि अनीक मिट्टा खोडो घालनु धड्डाव्नु जंचे तुत्तूले लान कोर्नु काडका। ह्ये मिश्रित कल्लोव्नु दवर्लेले फोवान्तु मेळोव्का। सांबाराचो पिट्टो फप्पूडका। व्होडु पिय्यावु (हित जल्यारि मात्र) सान सान कुटके कोर्नु तन्तु मिश्रण कोर्का। पिय्यावा कुटके घल्यारि चिर्डूक नज्ज (मिश्रण मात्र पूरो)। तिक्साणि चडि जल्यारि उणे चिंचांबाचे उद्दाक हज्जे ऊँच सिंपुयात)।

संजे वेळारि पाठशाला सोणु येंवचे चेर्डुवांकयि, लेक्कूनत्तिल्ले पवंचे सोयर्यांकय, एक स्वादिष्ट तसीचि सरळ जाव्नु धरारि कोर्यात जल्लेले एक लघु भक्षण तं यें।

वाति - തിരി - Wick

- शैलेष कम्मत. एम., कोच्ची

लब्बॅणावाति/गंदा वाति - ചന്ദനത്തിരി - Incense Stick
मुम्बरा वाति - കൊതുകുതിരി - Mosquito Coil
मेणा वाति - മെഴുകുതിരി - Candle
आर्ति वाति - ആരതിത്തിരി - Arathi Wick
दिवले वाति - വിളക്കു തിരി - Lamp Wick
पोणसा वाति - ചക്കത്തിരി - The bud of Jackfruit tree
फुल्लावाति/फुल्लांकुत्ति - മേശപ്പൂ - Flower Pot
सिर्सिरवाति - കമ്പിത്തിരി - Sparkler
हतॅवाति - കൊടിവിളക്ക് - A lamp with handle

गोंय आनी केरळ कोंकणींतलें अंतर

- एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

कायदो = नियमु / नेमु
तरीय = जल्यारीय
राग = कोपु
लग्न = व्हर्डीक
फुस्कायत = फुंकिताय
खोस = सन्तोषु
हय / व्हय = व्हय
म्हण्टकूच = म्हळ्यावरी

With best compliments from :
K.J. Udayakumar
Mob : 9846038317
9846443179
NAVODAYA GARMENTS
CHERLAI, KOCHI - 682 002
SAREE & CHURIDHAR MATERIALS AVAILABLE

धांवु

- कु. अञ्जली किणी, कोच्ची

अतां मनुष्य धावनूचि अस्सय। धांवु रे धांवु। सगटांचय पशी व्हडि शिक्वण मेळूक आसिलो धांवु, गांवु सोणु परगावान्तु वचून रवूक आसिलो धांवु, वर्ष जालेले मनुष्यांक देवस्थानारि सोणु घूवनु चोवनत्तिले एक धांवु, चांग काम-म्हळ्यारि चड दुडु मेळचे काम सोदून एक धांवु, लागी घरान्तुले मनुष्या पशी मुकार येवचाक एक धांवु, व्हर्डिकेन्तु थकून मोचन मेळूकंय एक धांवु, आनी अत्तां चड जाला आवसु-वापसूक सोणु प्रेमी मगल्यान धांवु। हो धांवु "ओलिम्पिक्सान्तु" धावलो असिलो जाल्यार आम्का उतूल पदक मेळतले आसिलें ?

धांवनु-धांवनु मानवु खंय पावता ? आशा वडूनु ती अत्याग्रहाचे रूप घेत्ता, लेकिलेले कशी पुणी हतान्तु काडूक, नाका जालेलें कर्म कोरनु, ते मेळना जायना पडेन निराशाय जात्ता।

हो वे आमगेले जीवनाचो उद्देशु ?

दुडु कोरका, हो विचार मात्र तां अत्तां मनुष्याले मत्यार पोणु घुवता। जीवनाचे चाळीस-पन्नास वर्षं अस्सि दुडु कोरूक मात्र, काम कोरनु अस्सिली शान्तीय, अरोग्यय पेलांघालका इत्याक? म्हान्तार प्रायेर सुख मेळूक। मेळ्ता वे ? तेंवय ना।

चेर्डुवांक चोंवका जालेले प्रायेर चोयना जाल्यार आव्सु-वापसूक वर्ष प्रायेर तानी चोयतली वे? तवळी कोणाली चूकी ? उत्तर ना।

अतां कसले संबंधाकय कसले मोल ना जाले। धांवनु-धांवनु वतना आमी आमगेले आवसु-वापसूक, आन-भावांक, आकी-भयण्यांक, चेर्डुवांक, मित्रांक सग विसरताय। जीवनान्तुले सन-सनचि कायरान मेळचो तो सन्तोपु अतां कोणाक मेळना जाता। मस्त कायरी आमगेले दोळ्यान्तु पॅणा। कायरीं इत्तें ? आमगेलगी वेळु ना। केवल धांवचाक तां वेळु आसा।

आनी सग जावनु मगलान घूवनु चोवनु आमी स्वयं निंवगीताय "आमी ह्यं जीवनान्तु कसले केल्ले ?" हो धांवु धावनु आंका इत्ति मेळ्लें ?

"लेकिलेलें आपणांवचाक मानवु काडता कष्ट
तो नेण्तना जाता ताका मस्त नष्ट!
आठयता फाय भोगूयात पुण्य
धावनु पांवतना जीवन जाता शुन्य।।"

With best compliments from :
Mob : 09895947200
എല്ലാവിധ റെഡിമെയ്ഡ്
വസ്ത്രങ്ങൾക്കും
ഒരു വിശ്വസ്ത സ്ഥാപനം
Shradha
ചെറളായി ബസാർ,
പാലസ് റോഡ്,
കൊച്ചി -2

रस्पति - आर. के. प्रकाश, पळ्ळूर

Dr. P. N. N. सिंह
डॉ. प्रश्नु ना नरसिंह
SSLC, PDC, BSc., MBBS (3 times)

कुमार : डॉक्टर, तीस वर्ष जालीं हांव भाग्या चिटी काडतां। अतां बीतर एक सरि मेळ्ना। प्रश्नु इत्तेंय ?

डॉक्टर - प्रश्नु ना. पांच दिसांक वोखद दित्तां। तें जाव्नु चिटी विकल्यार पूरो, काडका नक्का।

* * * *

कम्मळक्का : डॉक्टर, मास स जाले पोटान्तु सचीन की ऐश्वर्या ?

डॉक्टर - प्रश्नु ना, दोगंय एक जालेले चांग एक लक्षणयुक्त कमळय जावयात, कमलाकान्तूय जावयात। स्वीकार केल्या पूरो।।

कर्नाटक - केरळ कोंकणी

- गुरुदत्त एस. प्रभु, कोच्ची

अडचन = अड्डावण
गुर्तु = वॅळॅकि/ वॅळॅक
जीवि कडगी = लंदे गुदगो
आकाशगूड्ड / दीप = पंजीरें
नारला मुंगो = नारला घोंघु
अवनास = अनवास
हट्टी/कोडके = (गायचो) गोट्टो
त्रासु दिवचे = प्रयासु कोरचे

आळें (കടങ്കഥ / Riddles)

- के. पुरुषोत्तम पै, कोच्ची

कपड रे तें कपड
मिल्लान्तुलें कपड न्हयि।
सान व्होड मस्त रे तें
गावान्तु सग विन्दून घल्यां।
काडूक धुवंचाक घडी घालूक
कोणाक जंवचें न्हयि तें।
तज्जेरि सर्वय मनीष मृगं,
मडोव्नु मडोव्नु वत्ताय।
संगाय तुमी कसलें कपड
बुध्येन चिन्तन कोरनु।।

चट्टो

परणी म्हण्णी

- श्रीदेवी सुरेश प्रभु, कोच्ची

* चेर्डाले मन्न अव्सूक तँ कळता।
* पिश्शें (लगले) म्होणु संगून आव्सु, आव्सु न्हय जावना।
* अव्सूले मन्न दुकेय्लारि एक कालाक चाँग जावना। (गति मेळना)
* कित्तलोयि/इत्तलोयि व्होळ्ळो जल्यारीय तो अव्सूक पूतूचि/चेर्डूचि।
* आव्सु समान आव्सु मात्र।

With best compliments from :

Phone : 2877682

രുചിയേറും ഭക്ഷണത്തിന്

KAMMATH HOTEL
(VEGETARIAN ONLY)
ERAMALLOOR P. O.

संस्थान तल स्कूळ गणित शास्त्र मंळेन्तु 'Group Project' क प्रथम स्थान मेळ्ळेलीं कोच्ची टी.डी. हाइस्कूळान्तुली चेर्डुवँ कु. **गणेश एस. पै** अनि कु. **उमानाथ एम. शेणै**।

प्रवृत्ति परिचय मंळेन्तु (वीड्स वर्क) तिस्सरे स्थान प्राप्त केल्लेलि कु. **सुजा. एस**।

भक्तिगीतु

- वी. सुरेश शेणै, कोच्ची

सुप्रभात दर्शनान
धन्य जत्ता जीवन
पूर्वजन्म सुकृतान
फुल्लेता मन मोहन (2)

नित्य तुक्का पूजन
करताव अम्मिं भक्तीन
सत्यू तुज्जें चैतन्य
मोक्षु दी तूं दयेन (2)

अमृत तुग्गेलें गायन
पुण्य जन्माक कारण
गोड तुगेलें कीर्तन
सर्व पापाक मोचन (2)

पिक्कल्लि सर्सी

- सुधा कम्मत. आर., कोटयम

संत रे वार्या... अरे संत....
राबल्या रे ती एक सर्सी सुकूनु,
बावनु, जल्यारि आय्वंत।
सळसळी वार्यान्तूय गडगडेतरे - कडकडेतरे
अरे... संत रे वार्या.... अरे संत....।
अस्स तीनि चारि पल्लेत तजेरि.. जाल्यारि..
राबिल्यारे ती चोव्नु मळबाचेरि।
उदाक आटून सुक्कले खन्ध्यान्तु
दिकतरे कलचे उडगासाचे पन्ने।
खिलखिलताले ते पल्ले झांडु वार्यान्तूइ
फूल पत्रान खिंधून अति मस्त।
येत्तालि गुर्वजियो प्रेम मल्लापाक ते खन्द्याचेरि
निदेतानी मजरापिल्लं सुखसुषुप्तीन ते सळ्यान्तु
कालचक्रा गुळक्यान्तु घुवलेले द्यं जन्माक
आजी अस्सी एक रूप दिल्ले परमात्मान।
हा... घल्लोरे घातोकु... पळ्ळिरे ती सर्सी
मूळ सोणु भूमीचेरि।
हृदयान्तुले अखान्तु दोळ्यान्तु दोनि थेंबे जाव्नु
पळ्ळेरे ताजे पय्यामोणान्तु।
गेल्लोरे तो आत्मा लीन परमात्मान्तु
सोळ्ळोरे मगल्यान उडगासाचो दुःख हृदयान्तु
धंपिल्ले दोळ्यांतूयि मूक मन्त्रान्तूयि
येयली एक प्रार्थना
नित्यशान्ति दीवका तूं परमात्मा
अंगले हृदयांतुलो प्रीति-पात्र रे तो आत्मा।

With best compliments from :
Phone : 9847275478
COCHIN VINYLS
8/1813, Town Hall Road, Koovappadom, Cochin - 2.
Mfrs. of : POLYTHENE BAGS, SHEETS, COLOUR TUBINGS, L. D. GROCERY COVERS, BLACK GARBAGE BAGS (1ST QUALITY), H. M. GROCERY COVERS, H.M. SILKY SHEETS & L. D. RUBBER RAINGUARDING SHEETS



माधव विट्टल कामत (एं. वि. कामत)

(7/9/1921 - 9/10/2014) - वा. लक्ष्मण प्रभु (रवि), अंचिकमळ

संस्कारान्तूय जीवितान्तूय औनत्य दवरलेले, प्रसिद्ध वार्ताकारि, प्रसार भारतीचे पूर्व अध्यक्षु, आळ इंड्या कोंकणि भाषा परिषदेचे पूर्व अध्यक्षु, मणिपाल इनस्टिट्यूट ओफ कम्यूणिकेषणाचे होणररि डयरक्टर, मणिपाल अकादमि ओफ हयर एडुकेषणाचे कार्यकारि समितीचे अंग जावनासले पद्मभूषण माधव विट्टल कामत मामाले देहान्त, दोन महीने फूडे अक्टूबर णवाव दिवसा तांगेले तिरणावे (93) वर्षारि जाले।

कर्णाटक उड्प्पांतु 1921 वर्षा तं तांगल जन्मु जालोलो। इकूणीस (19) वर्ष प्रायेरि ते पत्र (Print Media) लोकांतु चडले। सणडे टैमस, इल्लस्ट्रेटड वीकलि हाजे संपादक, ऐक्य राष्ट्रसभा आस्थान न्यूयोरकान्तले पी.टी.ऐ.चे लेखक, टैंमस ओफ इंड्याचे वाषिंगटण लेखक जावनु 1981 थांय ते कर्मनिरत जावन आसलेले। ताजे नंतर तं अटल बिहारि वाजपय सरकारान तांका प्रसार भारतीचे अध्यक्ष जावनु नियुक्ति केलेले। मृत्यु पांवचे उणेच दिवस फूडे थांय "केसरि" मलयाळम वारिकेन्तु तान्नि लेख पेटयलेल तं। तान्नि विविध विषयांतु पन्नासाचे लागि ग्रंथ रचना करनु उजवाडांतु हाडलेलासा। कोंकणि समूहाक, माधव विट्टल कामत मामाचे वाटेन औनत्य मेळे म्हळेले सत्य। तांचे आत्माचे मोक्ष प्राप्ति खातीर आंका प्रार्थना करया।

प्रसार भारतीचे अध्यक्ष असतना 2003 आगस्टान्तु तन्नि दृढ जाव्नु संगीलेले कि कोंकणी गिंताचे प्रचार करतले म्होणु अनि देशीय तलारि प्राधान्य हाडेयतले म्होणु, तेद्दनाचि तन्नि दोनि पुस्तकांचे -'Shenoi Goembab, The Man and his work' अनि 'The Triumph of Konkani' प्रकाशना वेळारि गोंयबाबान कोंकणी भाषेक दिल्लेले योगदानाक मुक्तकण्ठ प्रशंसा केल्ली। रवीन्द्र केळेकराले पुस्तकां पसूनु तन्नि "ओर्गनैसर 2009" तु बरेयलेले -'A Delightful reading from Konkani Literature' श्रद्धेय अस्सिले। आखेर थांय ते कर्मनिरत अस्सिले। अगस्त म्हय्नान्तु चमकिले कर्णाटक संस्थान तल कोंकणी साहित्य सांस्कृतिक सम्मेळनाचे ते अध्यक्ष अस्सिले। कोकंणी भास उलोवंचे जनानि तंगतंगेले चेर्डुवांक कोंकणी शिकोवंका म्होणु उद्बोधन केल्लें। तंगेले व्यक्तिगत अभिप्राय/मत लिपि खंचीयि जावो, कोंकणी शिक्कूका म्होणु तं अस्सिल्लो।

With best compliments from :

S. Muralidhara Shenoy
Mob : 9847947853

SMS VISION

PHOTOS & VIDEOS

COCHIN - 682 002

तेद्दूस - अतँ !!!

- गोश्रीपुरं हरिकुमार

With best compliments from:

SVA

SREE VENKATESWARA AGENCIES

T.D. East Sannidhi Road, Ernakulam
Kochi - 682 035. Kerala, India.

Tel : 0484 2381001, 2381002
Fax : 0484 2366063, 4091666
E-mail : svatd@svashop.com

M.G. Road Showroom:
2380333, 2380444, 4021897
E-mail : svamg@svashop.com

Products :

Sanitary Wares (Imported) - Toto, Roca, Duravil

Sanitary Wares (Domestic) - Parryware, Cera

Tiles - Johnson, Marbonite, Porcelano, Asian, Sonara, Somany, Bell etc.

Other Tiles - Ultra, Bisazza, Malwa Mirrage

Both Fittings (Imported) - Grohe, Toto, Milano

Other items : Shower Cubicles, Shower Cubicles (Tempered Glass), Shower Panel, Bath Tubs, Shower Tray, Glass Basins, Glass Blocks, Kitchen Sinks, Kitchen Accessories.

Interior Products:

Reg. No. KERKON/2012/45527 **SPANDAN** Registered - No. KL/EKM/732/2015-17
Vol. No. 4 Issue No. 1 Published by : KERALA KONKANI ACADEMY, KOCHI 10th Jan. 2015
Rs.5/-

Always. LOWEST PRICE . BEST BRANDS . BEST SERVICE . GENUINE OFFERS . GENUINE PRIZES

Pai Mobiles

Pai INTERNATIONAL

Pai DIGITAL

With Best Compliments



Corporate Office:

28/1A, 100 Feet Road, Indiranagar, Bangalore - 560 038 Ph: +91 80 25219466 / 67

ACROSS KARNATAKA & HYDERABAD
OVER 71 SHOWROOMS

Service / Helpline : 080 - 4246 4343

BANGALORE : BANNERGHATTA . BANASHANKARI . GIRINAGAR . HRBRLAYOUT . HSR LAYOUT-2 INDIRANAGAR . JAYANAGAR . KORAMANGALA . MAHADEVAPURA . MARATHAHALLI . PEENYA PUTTENAHALLI . RAJAJINAGAR . R.R. NAGAR . R T NAGAR . SARJAPURA . SUNKADAKATTE VIJAYANAGAR . YELAHANKA . YELAHANKA - 2 . YESHWANTHPUR

MOBILE STORES : SUNKADAKATTE . KHB COLONY . MOODALAPALYA . BYADRAHALLI . VIDYARANYAPURA DEVASANDRA . CHANNASANDRA . GANDHI BAZAAR . HEGGANAHALLI . JAYANAGAR 3rd BLOCK . JAYANAGAR 9th BLOCK . MALLESHWARAM . MANDYA . MYSORE . RAJAJINAGAR . SRINAGAR SANJAYNAGAR . THIPPASANDRA . UTHARAHALLI . YELAHANKA . SRINIVASNAGAR . M S PALYA

DIGITAL STORES : BTM 2nd STAGE . JAYANAGAR 7th BLOCK . KUMARASWAMY LAYOUT . RAJAJINAGAR BASAVESHWARANAGAR . MARUTHINAGAR

REST OF KARNATAKA : BELGAUM . BHATKAL . CHIKMAGALUR . CHITRADURGA . HASSAN . HUBLI . KUNDAPUR MANGALORE (Bunthshostel) . MANGALORE - 2 (Bajal) . SHIVAMOGGA . UDUPI .

BRAND SHOPS FOR BANGALORE : HSR LAYOUT (Sony Center) . INDIRANAGAR & KORAMANGALA (Samsung) . JAYANAGAR (LG Shoppee)

ANDHRA PRADESH : UPPAL . ATTAPUR . DILSUKNAGAR . KUKATPALLY . MADINAGUDA

BRAND SHOPS FOR HYDERABAD : KOMPALLY (Samsung) . ATTAPUR (Samsung)

Printed and published by Suresh A. Shenoi on behalf of Kerala Konkani Academy and
Printed at M/s. Prakash Process, Srinivasa Mallan Road, Ernakulam, Kochi - 682 035, Ph : 2350960 and
Published at 8/28, Santheri,1st Floor,Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road, Kochi - 682002. Editor - Suresh A. Shenoi